
# बुथ स्तरीय अधिकारी ई-पत्रिका

## “तंत्रज्ञान आनी पारदर्शकताये वरवीं वेंचणूक नोंदीचें शुध्दीकरण”



## मानादीक सीईसी, श्री ज्ञानेश कुमार हांचो संदेश



## भारताचे मुख्य वेंचणूक आयुक्त – मतदारांक संदेश

राष्ट्राचे निर्मिती खातीर पयलें पावल म्हणल्यार मतदान; देखून भारताचो दरेकी नागरीक; जाका पिरायेचीं 18 वर्सां पुराय जाल्यांत; मतदार जावंक जाय; आनी सदांच मतदान करुंक जाय; भारताच्या संविधाना प्रमाणें, वेंचणुकेचे कायदे, नेम आनी तातूंत जारी केल्ल्यो सुचोवण्यो; वेंचणूक  आयोग मतदारां वांगडा आशिल्लो, आसा आनी सदांच आसतलो.

### भारत के मुख्य चुनाव आयुक्त का मतदाताओं के लिये संदेश

राष्ट्र सेवा के लिये पहला कदम है मतदान;
अतःभारत के हर नागरिक जो 18 वर्ष की आयु पूरी कर चुके हों;
उन्हें मतदाता जरूर बनना चाहिये और मतदान अवश्य करना चाहिये;
भारत के संविधान लोक प्रतिनिधित्व क़ानूनों, नियमों और उनके अन्तर्गत जारी निर्देशों के अनुरूप;
चुनाव आयोग हमेशा मतदाताओं के साथ था, है और रहेगा।

### संपादकीय समिती

एन.एन. बुटोलिया
वरिश्ठ मुख्य सचीव (मतदार वळेरी)

अशोक कुमार
उपमहासंचालक (आयटी)

कुलदीप कुमार सहारावत
संचालक (प्रशिक्षण)
IIIDEM

संचालक (वेंचणूक नियोजन)

मधुसुदन गुप्ता
सचीव, EVM

संतोष कुमार
सचीव, स्वीप

### संपादकीय पंगड

आर के सिंग
समन्वयक, स्वीप

हंगकण सुम्पी
सल्लागार, स्वीप

फराह आल्वी
ग्राफिक डिझायनर, स्वीप

राशी सक्सेना
विभाग अधिकारी, स्वीप

# मतदार वळेरी (ER) ची संकल्पना

### वेंचणूक प्रक्रियेंत मतदार वळेरीचें म्हत्व

- लोकशायेंत वेंचणूक घेवंक मतदार वळेरी हो मुळावो दस्तावेज आसा.
- सगळ्या पात्र नागरिकांचीं नांवां मतदार म्हूण नोंद करता आनी सांबाळटा.
- नितळ आनी पारदर्शक वेंचणुके खातीर मतदार नोंदीची अचूकताय आनी एकात्मताय गरजेची आसा.
- मतदार नोंदणींत खंयचीय अचूकताय वा अंतर आसल्यार फकत प्रस्न निर्माण जायनात पूण एकंदर वेंचणुकेचे प्रक्रियेचेरूय परिणाम जाता.

### मतदार वळेरेंत आसपावीत करपाची आनी वगळावणीची पद्दत

- फॉर्म 6 – नव्या मतदारांक अर्ज.
- फॉर्म 6 अ – परदेशांतल्या मतदारां खातीर अर्ज.
- फॉर्म 7- मतदार वळेरींतलें नांव वगळावपाची/हरकत घेवपाची मागणी (मृत्यू/स्थलांतरीत/हेर कारणांक लागून).
- पत्तो बदलप, दुरुस्ती एपीक बदलप, वा पीडब्ल्यूडी चिन्नीत करपा खातीर फॉर्म - 8 अर्ज
- ऑफलायन – बीएलओ (BLO) वा मतदार नोंदणी केंद्रां (VRC) वरवीं सादर केल्लो फॉर्म
- ऑनलायन – मतदार हॅल्पलायन एपा वरवीं अर्ज वा voters.eci.gov.in चेर भेट दिवची

### पात्रताय

- व्यक्ती भारतीय नागरीक आसूंक जाय
- ईसीआयन निर्धारीत केल्ल्या प्रमाणें पात्रताय तारखेक, पिराय अठरा वर्सां (18) परस उणी आसूंक जायना.
- मतदार संघांतलो सामान्य निवासी आसूंक जाय

### अपात्रीकरण (1950 च्या RPA च्या कलम 16 ए प्रमाणें)

- भारतीय नागरीक ना.
- मानसीक संतूलन नाशिल्लो आनी सक्षम न्यायालया वरवीं तशें जाहीर केलां.
- भ्रश्टाचार आनी हेर वेंचणुके संबंदीत गुन्यांवांक संबंदीत खंयचेच कायद्याचे तरतुदी खाला मतदान करूंक अपात्र थारला.

# त्रुटी मुक्त वेंचणूक वळेरीची खात्री करप

### त्रुटी मुक्त वेंचणूक वळेरीची खात्री करप



- चालू आशिल्ली सुदारणां पयलींच्या कार्यावळी मजगतीं मतदार वळेरींतली विसंगती आनी अचूकताय पयस करपा खातीर फोन/मोबायल आनी ईमेल आयडी सारकिल्ले संपर्क तपशील आसपावीत करप गरजेचें आसा.

### वगळावणीची प्रक्रिया



- पुनरावृत्ती/जायत्यो नोंदीः नागरीक, राजकी पक्ष बीएलए (BLA) आनी आरडब्ल्यूए (RWA) कडल्यान नोंद केल्ल्या प्रकरणां खातीर क्षेत्र सत्यापन करप.
- लोकसंख्या शास्त्रीय नदरेन सारके, कायमचे स्थलांतरीत, आनी मृत्यू आयिल्ले मतदारः

- मतदार वा कुटुंबांतल्या वांगड्या कडल्यान फॉर्म-7 मेळ्ळ्या उपरांत पुश्टी जाल्लें मतदार वगळावप (मृत्यू).
- वगळावचें पयलीं नोटीस दिवची.

मरणाचें प्रमाणपत्र वा अधिकृत नोंदी वरवीं पडताळणी केल्यार मृत्य मतदारांक वगळावन, फॉर्म-7 शिवाय फुडें वचूंक शकता.

### चुकीची वगळावणी आड संरक्षण



- योग्य सत्यापन वा मरण दाखलो मेळ्ळ्या उपरांतूच नोंदणी वगळावची.
- नोंदणी नाशिल्ल्या मरणाक वा स्थलांतर केल्ल्यान वगळावणी खातीर फॉर्म – 7 ची गरज आसता.
- स्थलांतरण प्रकरणां खातीर फॉर्म - 8 मेळोवचो आनी नवी नोंदणी जोडचे पयलीं आदले नोंदणीची पुश्टी करची.
- वगळावणी खातीर बीएलओ चो अहवाल अनिवार्य आसता.

### ER त दव्यिांगताय आशलि्ल्या व्यक्तीक (बॅन्चमार्क दव्यिांगताय) ध्वजांकीत करप.



- मतदान केंद्राची सुविधा निश्चीत करपा खातीर फॉर्म - 6 वा फॉर्म - 8 त दिव्यांगताय तपशील दिवपी पीडब्ल्यूडी मतदारांक तांच्या दिव्यांगताय श्रेणी सयत डेटाबेसांत ध्वजांकीत करूंक जाय.

# तंत्रज्ञान आनी पारदर्शकताय आपणावपी ER तलें शुध्दीकरण हें बीएलओचें मुखेल कर्तव्य आसता

मतदार वळेरीची अचूकताय आनी अखंडताय निश्चीत करुंक बीएलओ म्हत्वाचो वावर करता. मतदार हॅल्पलायन एप, सेवा मतदार पोर्टला सारकिल्लें तंत्रगिन्यानाचेर चलपी उपाय आपणायल्ल्यात.

## मतदार वळेरी शुध्दीकरणांत बीएलओची भुमिका



- बूथ स्थरीय मतदार सत्यापन आनी डेटा अचूकतायेची जापसालदारकी आशिल्लो थळावो क्षेत्र अधिकारी बीएलओ आसा. नव्या मतदाराच्या अर्जांचें सत्यापन करप आनी मतदारांचो तपशील अद्यावत करप हीं तांचीं मुखेल कर्तव्यां आसात. डुप्लिकेट, मृत्यू वा स्थलांतरीत जाल्ल्या मतदारांक वगळावपा खातीर सोदून काडप. अचूकतायेची खात्री करपा खातीर घरा घरांनी वचून सत्यापन करप. आसपावणी, वगळावणी आनी सुदारणां मागणेंत मतदारांक आदार करप.

## तंत्रज्ञान – बीएलओ वरवीं वापरिल्ल्या चालीत शुध्दीकरण पद्दती




- रियल – टायम डेटा सत्यापना खातीर बीएलओ मोबायल एप:
  - घरा घरांनी सर्वेक्षण करतना घडणुकेच्या थळार मतदार तपशील तपासप.
  - रिअल – टायम डेटा आनी फ्लॅग विसंगती अपलोड करच्यो.
  - मोबायल स्टोर वापरुन कागदपत्रां डिजिटल पद्दतीन स्कॅन करचीं.
  - नव्या मतदारांचो आसपाव करुंक वा वगळावंक, अर्ज ट्रॅक आनी अद्यावत करप

## आधार – डी – डुप्लिकेशन टाळपा खातीर मतदार आयडी जोडप (आपखुशेन)



- बीएलओ मतदारांक तांच्या मतदार आयडी कडेन आधार जोडूंक आदारं करता, मजत करता:
  - वेगवेगळ्या मतदारसंघांतलीं विभिन्न नोंदणीकरण वळखप.
  - बनावट वा अपात्र मतदारां कडल्यान फटवणूक करपी मतदान आडावचे.

## रियल-टायम एसएमएस(SMS) आनी ऑनलायन निरिक्षण



- बीएलओक मतदार नोंदणीकरण विनंती संबंदी तत्काळ एसएमएस (SMS) अलर्ट प्राप्त जाता.
- पारदर्शकतायेची खात्री करुन मतदार आपल्या अर्जाची स्थिती ऑनलायन पळोवंक शकतात.

## SSR चे प्रक्रयि वेळार बीएलओ वरवीं मतदार वळेरी शुध्दीकरणांत पारदर्शकतायेंत उपाय आसात.



- भौशीक छाननी आनी नागरीक सहभाग:
  - मतदार सेवा पोर्टला वरवीं वा थेट बीएलओ कडेन हरकत वा दुरुस्ती सादर करुंक शकतात.
  - बीएलओ एपा मार्फत बीएलओ वरवीं करपाचें सत्यापन.

## बीएलओ आदारीत तंत्रज्ञान आनी पारदर्शकताय उपक्रमांचो परिणाम




- जलद आनी चड कार्यक्षम मतदार सत्यापन.
- चुकीची नोंदणी, डुप्लिकेट आनी अपात्र मतदारांचें निर्मूलन
- मतदार वळेरींत लोकांचो चड विस्वास.
- चड मतदार सहभाग आशिल्ल्यो त्रुटी मुक्त वेंचणुको.

डिजिटल साधनांचो लाभ घेवन, आनी नागरिकांच्या सहभागा वरवीं, बीएलओ भारताची मतदार वळेरी पारदर्शक, अचूक, आनी विश्वासार्ह - स्वतंत्र आनी निश्पक्ष वेंचणुकां खातीर एक बळिश्ट बुन्याद उरतली हाची खात्री करता.



# तळागळांतली माहिती



**नांव:** श्री जतिंदर सिंग
**मतदान केंद्र क्रमांक:** 08 आंगणवाडी इमारत क्रमांक 02, मालोया कॉलोनी, चंदीगढ

श्री जतिंदर, हांणी मतदार जागृताय मोहिमेंत सक्रीयपणान वांटो घेवन, ताच्या मतदान केंद्रांत मतदारांचें मतदान वाडोवंक मजत केल्या. ताणें एसएसआर- 2025 वेळार सकयल दिल्ल्या मापदंडां सयत 100% घरां – घरांनी वचून (एच 2 एच) क्षेत्र सत्यापन यशस्वीपणान पुराय केलां.

- संभाव्य मतदारांची वळख आनी संबंदीत फॉर्मांचें वितरण
- मतदार वळेरींतल्यो नोंदी सुदारप.
- लिंगभेद पयस करप.
- 18- 19 वर्सां पिरायेच्या तरणाट्यां मतदारांची नांव नोंदणी करपाचे यत्न करप.

उल्लेख करपा सारकी गजाल म्हणल्यार तर्कसंगत प्रक्रियें वेळार आनी घरां - घरांनी क्षेत्र सत्यापना वेळार तांकां जी क्षेत्र – स्तरा वयलीं माहिती दिल्या ती विश्वासाई आनी निर्णायक आशिल्ली. GELS – 2024 मजगतीं, वेंचणूक प्रक्रिया, मतदान तशेंच आयसीटी अर्ज म्हणल्यार मतदार हॅल्पलायन एप, मतदार सेवा पोर्टल, सक्षम (पीडब्ल्यूडी एप) सी - विजिल, सुविधा आनी हेरा विशीं राबित्याक आशिल्ल्यांक प्रेरणा आनी प्रोत्साहन दिवपा खातीर तांकां आपापल्या वाठारांत व्यापकतायेन मतदार नोंदणी मोहीम आनी चुनाव पाठशाळा आयोजीत केल्ल्यो.



**नांव:** श्री नरेंद्र कुमार शर्मा
**मतदान केंद्र क्रमांक:** 06 - गढी मोहन
**एसी:** 92-खेरागढ, आग्रा, उत्तर प्रदेश

प्राथमीक विद्यालय गढी मोहनचे मुख्याध्यापक आनी 92 – खेरागढ विधानसभा मतदारसंघाचे बीएलओ श्री नरेंद्र कुमार शर्मा हांणी, जंय वेंचणुके विशीं कमी माहिती आशिल्ल्या लोकांक, एका दुर्गम मागासलेल्या आनी दोंगराळ वाठारांत मतदार जागृताय करपा खातीर अथक परिश्रम घेतले.
एक वायट प्रथा ना करपाचें आव्हान ताणें घेतलें – गांवकारांनी गरजे भायर अशें समजून आपल्या चलयांची नांव नोंदणी करूंक न्हयकार दिलो. प्रतिकार आसून लेगीत एसडीएम खेरागढ हांचे कडल्यान मजत मागली ताणें लोकांक समजावपा खातीर गांवांत परत परत भेट दिवन खर यत्न केले.
ताच्या समर्पणाक फळ मेळ्ळें, ताका गांवांतल्या बायलांचो तेंको मेळ्ळो. ताणें 100% मतदार नोंदणी, आधार – EPIC जोडणी दिवन समाजाक सशक्तीकरण करप आनी गैरहाजीर आशिल्ल्या मतदारांक वगळावन वेंचणूक जागृतायेन समाजाक सक्षम करूंक येसस्वीपणान साध्य केलें. तांच्या तोखणाय करपा सारक्या यत्नांनी गांवचें रुपांतर जालें आनी तांणी समाजाची सतत सेवा केल्ले खातीर आमी तांकां परबीं भेटयतात.

**नांव:** श्री सुमित कुमार गौतम
**मतदान केंद्र क्रमांक:** 44 उर्दू मुळावी शाळा, मानेर
**एसी.:** 187 - मानेर, बिहार



श्री ब्रजेश कुमार ब्रजेश हांची बूथ स्तरीय अधिकारी, म्हूण नेमणूक केली, ताका नेमुन दिल्ल्या वाठारांत, मतदारांक तांच्या मतदानाच्या हक्काची जागृताय नाशिल्ल्याचें तांणी निरिक्षण केलें. तांणी मतदान करपाचें वा नांव नोंदणी करून घेवपाची उणीच आवड दाखयली. बीएलओ ह्या नात्यान आपल्या वाठारांत मतदार जागृताय आनी आवड उणी आशिल्ल्याचें तांकां दिसलें. एक मुखेल कारण म्हणल्यार 25% मतदारांनी उजो लागिल्ल्या कारणाक लागून आपलीं घरां आनी कागदपत्रां वगडायलीं, ताका लागून तांकां मतदान करूंक मेळचें ना असो विश्वास निर्माण जाल्लो.

हाचेर उपाय काडपा खातीर तांणी तांकां भारत वेंचणूक आयोगान दिल्लीं पर्यायी कागदपत्रां विशींचें शिक्षण दिलें आनी मतदार वळखपत्रां मेळोवपा खातीर फॉर्म -8 भरपाक तांकां आदार केलो. तांच्या यत्नांक लागून ताचो आत्मविस्वास परत मेळ्ळो. समाज फुडाऱ्याच्या आदारान. अधिकारी, समाजसेवक, तांणी मतदानाचें म्हत्व सांगून फुडें जागृताय केली, ल्हवू ल्हवू मतदारांचो सहभाग वाडयलो.

**नांव:** श्री पी.लालेंगमाविया
**मतदान केंद्र क्रमांक:** 25 खवरी
**एसी.:**29 - तुईपुई दक्षिण, लुंगलेई जिल्लो, मिझोरम



श्री पी. लालेंगमाविया सध्या सरकारी मिडल स्कूल, खवरी हांगा शिक्षक म्हूण काम करतात. 2012 वर्सा सावन ताची नेमणूक जाल्या उपरांत ते 29/25 खवरी, ह्नाहथियाल जिल्लो, मिझोरमचो बीएलओ म्हूण काम करता. ताचें नेमून दिल्लें मतदान केंद्र म्हणल्यार सरकारी प्राथमीक शाळा खवरी.

विशेश सारांश फेरविचार (एसएसआर) संबंदीत सुनावणी प्रक्रिया करचे पयलीं आनी वेळार तांणी केल्ले कारवायेंतल्यान तो एक विस्वासाई व्यक्ती आशिल्ल्याचें दिसून आयलें. पुराय प्रक्रिया सुरळीत करुंक ताचे यत्न एक मुखेल घटक आशिल्ले. सादर केल्ल्या फॉर्मांक वैयक्तीक ईपीआयसी क्रमांकां कडेन जोडप, ई-रोल आनी हेरांचेर चिन्नाकीत करप, कांय यत्नांक लागून पुराय श्रवण प्रक्रियेची कार्यक्षमताय आनी परिणामकारकताय खूब व्हडा प्रमाणांत वाडल्या.

**नांव:** मिस सुनीता कुमारी
**मतदान केंद्र क्रमांक**: 56-मोतेय
**एसी:** 73 - सुचेतगढ (एससी), जिल्लो जम्मू, जम्मू कश्मीरचो केंद्र शासित प्रदेश



**मिस सुनिता कुमारी, मतदार वळेरींतल्यान विसंगती (म्हळ्यार तर्कीक त्रुटी, डुप्लिकेट नोंदी, वायट दर्जाच्यो प्रतिमा, हेर) 100%वगळायल्यो. तिणें वेंचणूक प्रक्रियेंत वांटो घेवपा खातीर लोकां मदीं विशेश करुन बायल मतदारां मदीं जागृताय केली.**

**वेंचणूक नोंदींत कुटुंब समूह तिणें दुरुस्त केलां. लोकसभा वेंचणूक 2024 आनी जम्मू-कश्मीर विधानसभेची वेंचणूक 2024 मजगतीं घरां घरांनी भेट दिवन सुमार 100% एपीक/मतदार – स्लिपीचें वांटप केलें. विशेश सारांश दुरुस्ती वेळार ती विशेश शिबिराच्या दिसांनी हाजीर रावलीं आनी तरणाटे (फुडाराच्या) मतदार आनी बायल मतदारांचेर विशेश लक्ष केंद्रीत करपी खंयचेय दावे आनी अर्ज मेळ्ळे नात. तशेंच तिणें सगळ्या मतदारांचे 100% मोबायल नंबर आनी आधार क्रमांक एकठांय करुन अद्यावत केले.**

**नांव:** मिस बी जयप्रदा
**मतदान केंद्र क्रमांक:** 58 ऑफ पार्कल, 104 एलएसी, तेलंगणा




**मिस. बी. जयप्रदा, तेलंगणा राज्यांत फाटलीं 5 वर्सां सावन नगरपालिका क्षेत्रांत गरिबी निर्मूलन मिशनांतली संसाधन व्यक्ती MEPMA आनी बीएलओ आसात. सदांची नोकरी आनी बीएलओची जापसालदारकी वांगडाच कर्तव्यां प्रत्यक्षांत एकामेकांक पूरक आशिल्ल्यान विशेश करुन नगरपालिका सर्वेक्षणांत वांटो घेतना, MEPMA येवजणेंतल्यान रिणा खातीर अर्ज दाखल केल्ल्यान कुटुंबांक मतदार नोंदणींत भाग घेवंक कांय बदल आसल्यार आनी वेंचणुकेच्या दिसा मतदान करुंक प्रभाव घालूंक मजत जाली. तेंच वांगडा समनवयस्क दृश्टीकोणांत तरणाट्यांक पुराय सुनावणी प्रक्रियेच्या बीएलओचो संदर्भ दिवन चड शिक्षीत नाशिल्ल्यांक वा शाळा / महाविद्यालयां भायर आशिल्ल्यांक वेंचणूक सेवेंत प्रवेश मेळोवंक माहिती जागृताय दितात.**

**बरे संबंद मेळोवपा खातीर ताळमेळ सादप आनी तांकां बळगें दिवप म्हत्वाचें आसा, विशेश करुन तरणाट्यां बायलां आनी दादल्यां मदीं जे कशें तरेन आपल्या सदांच्या वावरांत 'खूब व्यस्त' आसतात. देखून, हांवें तांकां मतदार हॅल्पलायन ॲप वापरपाक आनी नोंदणी खातीर अर्ज करुंक प्रोत्साहन दिवन तंत्रगिन्याना वरवीं तांचे कडेन संपर्क सादलो, फोन क्रमांक, पत्तो बदलप, एपीक कार्ड आनी हेर तपशीलांत कसलोय बदल जालो आनी तो एक वचनबद्ध बीएलओ म्हूण काम करता – जाका NVDचेर उत्कृश्ट बीएलओ पुरस्कार मेळ्ळो**

**नांव:** श्री इंद्र राम देवदा
**मतदान केंद्र क्रमांक:** 172 पाली, जोधपूर, राजस्थान



श्री. इंद्र राम देवदा, शिक्षक स्तर – 1, महात्मा गांधी सरकारी शाळा, इंग्लीश माध्यम मथानिया हांगा काम करपी. गांवांनी जागृताय नाशिल्ल्यान हांगाचे मतदार आमकां जाय ती सगळी म्हायती दिवंक फाटीं सरतालें – पूण ताकतिकेन जरी तांणी आपल्या पांवड्यार मतदार नोंदणी तयार केली, तातूंत तांणी कुटुंबांतल्या सगळ्या मतदारांची वळेरी तांचें नांव, बापायचें नांव, आधार कार्ड क्रमांक आनी आधाराचेर उल्लेख केल्ली जल्म तारीख तांच्या निवासी पत्त्या सयत नोंद केली.
ते खातीर ताका सदांच सुमार 1 ते 2 वरां चड काम करचें पडटालें. देखून ताका आपल्या कुटुंबाच्यो आनी वैयक्तीक जिणेच्यो जायत्यो म्हत्वाच्यो जापसालदारक्यो कुशीक दवरच्यो पडल्यो. जेन्ना ही वळेरी तयार जाली तेन्ना तांणी ती म्हज्या मतदार यादी कडेन जुळयली आनी 18 वर्सां पिरायेच्या आनी अजुनूय मतदार वळेरींत आसपाव जावंक नाशिल्ल्या सगळ्या मतदारां कडेन संपर्क सादपाक सुरवात केली. तांचीं नांवां वळेरेंत घालपा खातीर गरजेचीं कागदपत्रां तांणें एकठांय केलीं. म्हज्या उत्कृश्ट वावरा खातीर जिल्लो स्तरीय जोधपूरच्या जिल्लोधिकाऱ्यान ताचो भोवमान केलो. 'मेहनत कर रे मनवा, मेहनत रखा मान' ही म्हण पुराय करपा खातीर कर्तव्याच्या मार्गाचेर स्वताची परिक्षा घेवपाक सदांच तयार रावंक जाय.



**नांव:** श्री मोहम्मद इलियास वाणी
**मतदान केंद्र क्रमांक** 4 - नेवा बी , जिल्लो पुलवामा
**एसी.:** 34 पुलवामा, जम्मू आनी कश्मीर चो केंद्र शासीत प्रदेश.

चडांत चड मतदार नोंदणीची खात्री करुन, खास करुन पयलेच खेपे मतदार, बायलां आनी उपेक्षीत समाजां मदीं व्हड प्रमाणांत घराघरांनी मतदार जागृताय मोहीम आयोजीत केल्या. मतदार नोंदणी पुराय करुंक आनी तांची वैयक्तीक रितीन जाण्टे आनी दिव्यांगताय आशिल्ल्या नागरीकांक एपीक मेळोवंक मजत केली.(मतदार फोटो वळखपत्र)

माहिती दिवपी आनी नैतीक मतदानाक उर्बा दिवपा खातीर शाळांनी, आनी थळाव्या समाजांत संघटीत पद्दतशीर मतदार शिक्षण आनी वेंचणूक सहभाग (स्वीप) कार्यावळी. तरणाटे आनी पयलेच खेपे मतदारां कडेन वावुरले, तांकां आपल्या लोकशाय हक्काचो जापसालदारकेन वापर करुंक प्रवृत्त करप. मतदार वळेरींत पारदर्शकतायेंत अचूकताय:- त्रुटी निश्चीत करुंक – मतदार वळेरींत बारीकसाणेन पडताळणी आनी अद्यावत करुन फुकट मतदार वळेरी. वेंचणूक प्रक्रियेची अखंडताय राखपा खातीर डुप्लिकेट, स्थलांतरीत आनी मरण आयिल्ल्यो मतदार नोंदी सोदून काडल्यो.

**नांव:** मिस संध्या गांवकार
**मतदान केंद्र क्रमांक:** 43 सरकारी मुळावी शाळा साळगिणी
**एसी.:** 39 सांगें (दक्षिण गोवा जिल्लो)



आपल्या भाग क्रमांक 43 त घरांघरांनी प्रचार करपी आनी दरेक मतदारान वेंचणुकेच्या दिसा भायर सरुन मतदान करपाची खात्री करुन घेवपी बीएलओ संध्या गांवकार हिणें सांगलें. लोकसभा वेंचणूक 2024 वेळार बूथ क्रमांक 39 – सांगें विधानसभा मतदारसंघ " 43 – सरकारी प्राथमीक शाळा, सालगिणी" हांणी गोंयच्या इतिहासांत पयलेच खेपे 100 टक्के मतदान मेळयलां. संबंदितांनी केल्ल्या जबरदस्त यत्नांक लागून हें घडलां.

नेत्रावळी गांवांत AERO 39 – सांगें, विधानसभा मतदारसंघांत पयलेच फावटी मतदार जागृताय कार्यावळ लायव्ह सादरीकरणा सयत आनी सगळ्या बीएलओंक ईसीआय "वनवोट, वनप्लांट" ह्या संदेशान विशेश करुन तयार केल्ले टी-शर्ट लाँच केलें. तशेंच थळाव्या जाण्ट्या गांवकारांच्या आनी मतदारांच्या हस्तूकीं "आमीसांगें" ह्या ऑडिओ मतदार जागृताय गिताची सुरवात करतना "वनवोट, वनप्लांट" ह्या ईसीआयच्या संदेशाचें अनावरण केलें.

**नांव:** मिस सीमा सोनी
**मतदान केंद्र क्रमांक:** 81- हरदा
**पत्तो:** 135 - हरदा, जिल्लो 29 - बेतुल (एसटी), मध्य प्रदेश



तशेंच प्रभाग क्रमांक 32 ची आंगणवाडी सेविका सीमा सोनी हांची विधानसभा मतदारसंघांतल्या 81- हरदा ह्या मतदान केंद्राची बूथ स्तरीय अधिकारी म्हूण नेमणूक केल्या.

विधानसभा वेंचणूक – 2023 आनी लोकसभा वेंचणूक – 2024 मजगतीं अनुक्रमान 91.21 टक्के आनी 68.36 टक्के मतदान जालें, जें विधानसभा मतदारसंघाच्या सगळ्या 274 मतदान केंद्रांनी चड आसा. सोनी हांच्या यत्नांनी विशेश सारांश फेरविचार – 2024 मजगतीं वट्ट 25 नांवां जोडलीं, तातूंतले 18 ते 19 पिराय गटांतले 21 नवे मतदार आशिल्ले. सध्याचें लिंग प्रमाण आनी मतदान केंद्र 81- हरदा हांचें EP प्रमाण अनुक्रमान 961 आनी 71.23% आसा.

नेमिल्ल्या कामां विशीं आनी विधानसभा वेंचणूक 2023 मजगतीं आपल्या मतदान केंद्राचेर 91.20 % चड मतदान नोंद केल्ले खातीर तिची प्रामाणीकताय मान्य करून, सोनी हांकां हरदाच्या सरकारी पॉलिटॅक्निक महाविद्यालयांत मनयिल्ल्या 14व्या राष्ट्रीय मतदार दिसा निमतान जिल्लो वेंचणूक अधिकाऱ्यान प्रशस्तीपत्र दिवन भोवमान केलो. मतदारांक तांच्या मताधिकारा विशीं जागृताय आनी प्रेरणा दिवपा खातीर सोनी सगळे यत्न करतात. हातूंत सर्ती, खेळ अशे तरेकवार नाविन्यपूर्ण कार्यावळींचो आसपाव जाता.



**नांव:** श्री. राजीव शर्मा
**मतदान केंद्र क्रमांक :** 12- पचेयखणी-बी
**एसी.:** 19 रेनॉक, पाकयोंग जिल्लो, सिक्कीम

श्री. राजीव शर्मा, एक समर्पीत आनी कश्टकरी बीएलओ हालींच हांकां सिक्किम सरकाराच्या गंगटोकच्या मुख्य वेंचणूक अधिकारी कार्यालयांतल्यान प्रतिश्ठीत जिल्लो पांवड्या वयलो उत्कृश्ट बीएलओ पुरस्कार फावो जाला. ही मान्यताय सुरळीत प्रक्रिया निश्चीत करूंक ताच्या अपवादात्मक योगदानाचेर आनी बीएलओ म्हूण ताचे भुमिकेंत ताणें केल्ले उत्कृश्ट कामगिरीचेर उजवाड घातला.

ह्या भोवमानाचो ताची बांधिलकी कार्यक्षमताय आनी ताच्या मतदारसंघांतले वेंचणूक वेवस्थेचेर म्हत्वाचो परिणाम जाता हाचो पुरावो म्हूण काम करतना. श्री. शर्मा खूब उत्कृश्ट आशिल्ले आनी मतदार वळेरी अद्यावत करूंक, मतदार नोंदणी सुलभ करूंक, जागृताय कार्यावळी घडोवन हाडूंक आनी मतदार सहभागा कडेन संबंदीत सगळ्या लॉजिस्टीक पैलूंचेर फावो त्या प्रमाणांत लक्ष दिवपाची जापसालदारकी आशिल्ली. ताच्या यत्नांक लागून खास करुन पयलेच खेपे मतदार आनी समाजांतल्या उपेक्षीत घटकां मदीं मतदार नोंदणींत व्हड प्रमाणान वाड जाल्या.

आधुनीक तंत्रगिन्यान आपणावन हांवें वेंचणूकेचो डेटा वेवस्थापीत करपा खातीर डिजिटल साधनांचो आनी सॉफ्टवॅराचो प्रभावी वापर केला, मतदार नोंदणी, सत्यापन आनी दळणवळणाची प्रक्रिया चड कार्यक्षम केल्या. 19 रेनॉक विधानसभा मतदारसंघाची मतदार वळेरी अद्यावत आनी अचूक जावची हे खातीर बीएलओ शर्मा हांणी तळमळीन काम केलां. ताचें सविस्तर लक्ष आनी नोंदींचें पुराय सत्यापन केल्ल्यान त्रुटी उण्यो जाल्यो आनी मतदार यादींची अखंडताय निश्चीत जाल्या.


## मतदार वळेरीचेर आशिल्ले तुमचें नांव तपासचें

**1950 कडेन SMS<ECI>SPACE<EPIC No.>**
**वा मतदार हॅल्पलायन1950 फोन करचो**

**#हांव खात्रीन मतदान करतां**




मतदार हॅल्पलायन एप स्कॅन करुन डावनलोड करचें

Call Voter Helpline 1950
Log on to
elections24.eci.gov.in

fb.com/ECI
@ecisveep
youtube.com/eci
@ecisveep
Election Commission of India
/company/election-commission-of-india-official